Panaji national 22.04.2026 at 8.40 am

मुखेल खबरो

- तामिळनाडू विधानसभा वेचणुके खातीर आणि पश्चिम बंगालातल्या पयल्या टप्प्या खातीरचो प्रचारकाल सांजे सोपलो.
- तामिळनाडू आणि पश्चिम बंगालात सुरू आशिल्या विधानसभा वेपणुकां खातीर वेचणूक आयोगान आंतरराष्ट्रीय न वेचणूक अभ्यागत कार्यक्रम (IEVP) च्या दुसऱ्या टप्प्याक सुरुवात केल्या.
- आत्मनिर्भर भारत हो सह-निर्मिती, सह-विकास आणि सह-नवोपक्रमा खातीर एक आमंत्रण आसा अशे सांगुन भारत आणि जर्मनीच्या संरक्षण उद्देगिक परिसंस्थांत वाढीव सहकार्या खातीर खर आवाहन संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंह हांणी केले.
- Ipl cricketaat आज, लखनौत भारतरत्न श्री अटलबिहारी वाजपेयी एकाना क्रिकेट स्टेडियमारर लखनौ सुपर जायंट्सचो  राजस्थान रॉयल्सआड सांजे ७:३० वरांचेर खेळ जातलो

tn

तामिळनाडू विधानसभा वेचणुके खातीर आणि पश्चिम बंगालातल्या पयल्या टप्प्या खातीरचो प्रचार काल सांजे सोपलो.  तामिळनाडूत  एकाच टप्प्यात आणि पश्चिम बंगालात  पयल्या टप्प्यातले मतदान तेवीस एप्रिलाक जातले . पश्चिम बंगालात प्रचाराच्या निमण्या दिसा, केंद्रीय मंत्री आणि भाजपचे ज्येष्ठ फुडारी अमित शाह पश्चिम बर्धमान कुल्टी आणि सिलीगुडी हांगा सभांनी उलयले . भाजप फूडारी रेखा गुप्ता आसन/सोलात रोड शोत सहभागी जाली.

दुसरेकडे, तृणमूल काँग्रेसची अध्यक्ष आणि पश्चिम बंगालची मुख्यमंत्री ममता बॅनर्जी यांनी हल्दिया/त जाहीर सभेत उलोवप केले. वेचणूक आयोगान सगळ्या जिल्ह्यांतल्या जिल्लो वेचणूक अधिकारी आणि पोलीस अधीक्षकांक लोकप्रतिनिधित्व कायद्याचे काटेकोरपणान पालन करपाचे आणि शांतता कालावधी लागू करपाचे निर्देश दिल्यात. पश्चिम बंगालात दुसऱ्या टप्प्यातले मतदान एकोणतीस  एप्रिलाक आसा. तामिळनाडूत, भाजपचे ज्येष्ठ फुडारी आणि केंद्रीय मंत्री पियुष गोयल यांनी राज्यात प्रचार केलो. AIADMKचे महासचिव एड/प्पाडी पलानी/सामी  “सेलमात” जाहीर सभेत उलयले . tvkचे संस्थापक, अभिनेते आणि राजकारणी विजय यांनी चेन्नईत प्रचार केलो.  मतमेजणी ४ मे क जातली.

elections

तामिळनाडू आणि पश्चिम बंगालात सुरू आशिल्या विधानसभा वेपणुकां खातीर वेचणूक आयोगान आंतरराष्ट्रीय वेचणूक अभ्यागत कार्यक्रम (IEVP) च्या  दुसऱ्या टप्प्याक सुरुवात केल्या. मुख्य वेचणूक आयुक्त ज्ञानेश कुमार हांणी काल नवी दिल्लीत इंडिया इंटरनॅशनल इन्स्टिट्यूट ऑफ डेमॉक्रसी अँड इलेक्शन मॅनेजमेंट हांगा या कार्यक्रमाचे उक्तावण केले. आयोगान एका निवेदनात म्हणला  की, दिल्लीतल्या परदेशी दूतावासांच्या प्रतिनिधींसयत १७ देशांतले एकूण चवतीस  प्रतिनिधी या कार्यक्रमात सहभागी जातले. प्रतिनिधींक evmचे प्रात्य/क्षिक दाखयले आणि मतदान प्रक्रियेचो प्रत्यक्ष अणभव घेवपाक त्यांनी mock पोलातुय भाग घेतलो. हे प्रतिनिधी आज पश्चिम बंगाल आणि तामिळनाडूच्या दौऱ्यार वतले आनी थंय  ते जिल्लो नियंत्रण कक्ष आणि माध्यम निरीक्षण केंद्रांसयत हेर  सुविधां पळयतले . ते फाल्या प्रत्यक्ष मतदानय पळयतले.

हेल्पलाइन

पश्चिम बंगालचे राज्यपाल आर. एन. रवी यांनी आगामी दोन टप्प्यांतल्यो विधानसभा वेचणुक, मुक्त, निष्पक्ष आणि भयमुक्त जावच्यो हे खातीर २४x७ नागरिक हेल्पलाइन सुरू करपाची घोषणा केल्या. काल राज्यपालांच्या कार्यालयातल्यान जारी केल्या निवेदना प्रमाण, फाटल्या काय दिसांत राज्यपालांनी जनते वांगडा घेतिल्या बसकेत राज्यात वेचणुके आदीच्या आणि उपरांत जावपी हिंसाचाराबद्दल चिंता व्यक्त केल्यान हेल्पलाइन सुरू करपाचो निर्णय घेतला.

Ind-germany

आत्मनिर्भर भारत हो सह-निर्मिती, सह-विकास आणि सह-नवोपक्रमा खातीर एक आमंत्रण आसा अशे सांगुन भारत आणि जर्मनीच्या संरक्षण उद्देगिक परिसंस्थांत वाढीव सहकार्या खातीर खर आवाहन संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंह हांणी केले. काल आपल्या तीन दिसांच्या जर्मनी दौऱ्याच्या पयल्या दिसा जर्मन संरक्षण आणि सुरक्षा विषयक संसदीय स्थायी समिती कडे उलयताना सिंह हांणी ठामपणान सांगले की, आज जग नवीन सुरक्षा धोक्यांचो फुड़ो करता आणि तांत्रिक परिवर्तनाक लागुन परिस्थिती अत्यंत गुंता/गुंतीची आणि एकमेकांत घुसपल्या. बदलत्या वातावरणाकडे जुळोवन घेवपाच्या इच्छेसयत एक नवीन दृष्टिकोन ही काळाची गरज आसा, अशे तांणी म्हणले. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी यांच्या दूरदर्शी फुडारपणाखाला भारत संरक्षण क्षेत्रात अभूत/पूर्व परिवर्तन अणभवता आणि जर्मन उद्देगा वांगडा वाढीव भागीदारीतल्यान महत्त्वपूर्ण परस्पर लाभ मेळुंक शकता अशे ते उलयले. संरक्षण मंत्र्यांनी पुनरुच्चार केलो की, भारत आणि जर्मनी फक्त साम/रिक भागीदारुच ना, तर सध्याच्या काळात जागतिक चर्चेक आकार दिवपी महत्त्वपूर्ण आवाजय आसात.

या दौऱ्या वेळार, ते दोन्ही देशांमधली साम/रिक संरक्षण भागीदारी अधिक घटमुट करपाक त्यांचे जर्मन समपदस्थ, बोरिस पिस्टो/रियस आणि हेर वरिष्ठ फुडारया वांगडा द्विपक्षीय चर्चा करतले.

Vp

उपराष्ट्रपती सी.पी. राधाकृष्णन हाणी म्हणला कि सरकाराच्यो येवजण्यो आनी धोरणां तळागाळा मरेन चालीक लावपाच्या प्रक्रियेन नागरी सेवांचो मुखेल वांटो आसा . आयज नवी दिल्लींत नागरी सेवा दिसानिमतांत आयोजित कार्यावलीन ते उलयताले. राजधानी दिल्लींत येवजण्यो लागू करप सोपे , पूण पयसुल्ल्या गांवांनी जेनना फळादीक परिणाम दिसून येतात ,tenna त्यो येवजण्यो खऱ्या अर्थान चालीक लागतात . सरदार वल्लभाई पटेल हांका अखिल भारतीय सेवांचो जनक म्हणत उपराष्ट्रपतीनी सांगलें, कि सरदार पटेल हाणी सेवा आणि एकचाराच्या भावनेन देशाक एकठांय हाडलो .

defence

संरक्षण मंत्रालयान टी-७२ आणि टी-९० रणगाड्यां खातीर 'ट्रॉल असेंब्ली'च्या खरेदीक सुमार नवशे पंचातत◌र  कोटी रुपयांच्या कबलातीचेर सय केली. नवी दिल्लीत संरक्षण सचिव राजेश कुमार सिंह हांच्या उपस्थितीत भारत earth  मूव्हर्स लिमिटेड आणि इलेक्ट्रो neumatics  अँड हायड्रॉलिक्स (इंडिया) प्रायव्हेट लिमिटेड हांचे वांगडा या कबलातीचेर सय केली . संरक्षण मंत्रालयान एका निवेदनात म्हणाला की, टी-७२ आणि टी-९० रणगाड्यां खातीर 'ट्रॉल असेंब्ली' हे एक महत्त्वपूर्ण उपकरण आसा, जे भारतीय लष्कराची सुरुंग/क्षेत्र भेदण्याची क्षमता वाडयतले.

मंत्रालयान मुखार म्हणला की, ही खरेदी भारताच्या संरक्षण मुळाव्या सुविधांचे आधुनिकीकरण करपाच्या आणि स्वदेशी उद्योगांक सक्षम करपाच्या दिशेन एक महत्त्वपूर्ण पावल आसा, जे आत्मनिर्भर भारताचे अभिमानास्पद ध्वज/वाहक थारतले. या प्रकल्पात घटक निर्मिती वरवी सूक्ष्म, लघु आणि मध्यम उद्योग (MSME)क प्रोत्साहन देऊन प्रत्यक्ष आणि अप्रत्यक्ष रोजगार निर्मितीची प्रचंड क्षमता आसा

ANnouncement

प्रसार भारतीन दूरदर्शन केंद्र, पणजी हांगा नैमित्तिक पदां खातिर अर्ज मागयल्यात. संपादकीय सहाय्यक, वृत्तवाचक, सीजी ऑपरेटर पदा खातीर इत्सुक उमेदवार ३० एप्रिल २०२६ मेरेन अर्ज करू शकतात तशेच आकाशवाणी पणजी न्यूज रीडर-कम-ट्रान्सलेटर नैमितिक पदा खातीर तात्पुत्या करारा खातीर अर्ज मागयता. अर्ज करपाक निमणी तारीख 17 मे आसा

Sports

आयपीएल क्रिकेटात सनरायझर्स हैदराबादन काल राती हैदराबादातल्या राजीव गांधी आंतरराष्ट्रीय स्टेडियमार जाल्या खेळात दिल्ली कॅपिटल्सचो सत्तेचाळीस धावड्यांनी पराभव केलो. अभिषेक शर्मा सर्वाधिक धावड्यो करपी फलंदाज थारलो. ताका सामनावीर म्हणून घोषित केलो. आज, लखनौत भारतरत्न श्री अटलबिहारी वाजपेयी एकाना क्रिकेट स्टेडियमारर लखनौ सुपर जायंट्सचो राजस्थान रॉयल्सआड सांजे ७:३० वरांचेर खेळ जातलो

Imd

भारतीय हवामान खात्यान  आज दिल्ली, पंजाब, हरियाणा, चंदीगड, उत्तर प्रदेश, बिहार, छत्तीसगड, गंगा देंगणातले पश्चिम बंगाल आणि मध्य प्रदेशात उष्णतायेच्या ल्हारांचो अंदाज दिला. हवामान विभागान गंगा देंगणातले पश्चिम बंगाल, दर्यादेग आंध्र प्रदेश, केरळ, माहे, ओडिशा आणि तामिळनाडूत उष्ण आणि दमट हवामानाचो अदमास दिला . दिल्ली, हरियाणा, चंदीगड आणि छत्तीसगडात मुखावेले  तीन दिस रातचे उबदार हवामान उरतले. आयएमडीन आज अरुणाचल प्रदेश, दर्यादेग आंध्र प्रदेश, कर्नाटक, कोकण, गोय , मध्य महाराष्ट्र, मराठवाडा आणि ओडिशात गडगड आणि विजांचो कडकडाट जावपाचो अंदाज दिला

एक फावट काय मुखेल खबरो

- तामिळनाडू विधानसभा वेचणुके खातीर आणि पश्चिम बंगालातल्या पयल्या टप्प्या खातीरचो प्रचारकाल सांजे सोपलो.
- तामिळनाडू आणि पश्चिम बंगालात सुरू आशिल्या विधानसभा वेपणुकां खातीर वेचणूक आयोगान आंतरराष्ट्रीय न वेचणूक अभ्यागत कार्यक्रम (IEVP) च्या दुसऱ्या टप्प्याक सुरुवात केल्या.
- आत्मनिर्भर भारत हो सह-निर्मिती, सह-विकास आणि सह-नवोपक्रमा खातीर एक आमंत्रण आसा अशे सांगुन भारत आणि जर्मनीच्या संरक्षण उद्देगिक परिसंस्थांत वाढीव सहकार्या खातीर खर आवाहन संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंह हांणी केले.
- Ipl cricketaat आज, लखनौत भारतरत्न श्री अटलबिहारी वाजपेयी एकाना क्रिकेट स्टेडियमारर लखनौ सुपर जायंट्सचो  राजस्थान रॉयल्सआड सांजे ७:३० वरांचेर खेळ जातलो